Panaji National 12th July 2026 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची  तीन राश्ट्रांची भोंवडी सोंपली; न्यूझीलंडाचे प्रधानमंत्री क्रिस्टोफर लक्सना कडेन सविस्तर उलोवणी करून ते भारतात परततात.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज अहमदाबाद शारांत अहमदाबाद नगरपालिकेच्या 405 कोटी मोलाच्या वेगवेगळ्या जन केंद्रीत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्यादी फातर बसयतले.
- केंद्रीय शेतकी आनी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चव्हाण आयज नवें दिल्लींतल्या पुसा (PUSA) कॅम्पसांत 'पर्यावरण संरक्षण संकल्प' कार्यावळींत वांटो घेतले.
- ‘एक राष्ट्र, एक वेंचणूक’ संबंदीत प्रस्तावीत विधेयकांची तपासणी करपी संयुक्त संसदीय समितीन गोंयांत दोन दिसांची चर्चा पुराय केली.
- अन्न सुरक्षे विशींच्या कागाळींवेल्यान FSSAIन  स्विगी इंस्टाmartक णव नोटीस जारी केल्यात.
- इंग्लंडान पांचवे आनी निमाणे टी-20 मॅचींत भारताक 56 धांवड्यांनी हारयलो आनी  पांच मॅचींची माळ 4-0 फरकान जिखली.

PM –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी न्यूझीलंडाची आपली दोन दिसांची इतिहासीक भोंवडी सोंपोवन भारतात परतले. चार दशकां उपरांत भारतीय प्रधानमंत्र्यानं न्यूझीलंडाक दिल्ल्या ह्या पयल्या भेटीक लागून द्वीपक्षीय संबंदांक व्हडली चालना मेळ्ळी. ह्या भोंवडे वेळार प्रधानमंत्री मोदी हाणी न्यूझीलंडचो आपलो समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हाचे कडेन उलोवप केलें.

भारत आणि न्यूझीलंडान आपल्या द्विपक्षीय संबंधांक 'धोरणात्मक भागीदारी'चो दर्जो दिलो आनी मुखेल क्षेत्रांतल्यान साबार कबलाती आनी समजिकाय क्बलतींचेर सयों केल्यो. हातूंत संरक्षण, पर्यटन, खेळ, आपत्ती वेवस्थापन, आनी दुग्ध आनी पशुपालन ह्या क्षेत्रांचो आस्पाव आसा.

ऑकलंडच्या स्पार्क एरिना हांगा जाल्ली समुदाय कार्यावळ हि ह्या भेटीचें मुखेल खाशेलपण आशिल्लें, तातूंत भारतीय समुदायाचे धा हजारां परस चड वांगडी हाजीर आशिल्ले. भारत आनी न्यूझीलंड हांचो फुडार एकामेकांकडेन जोडिललो आसा आनी ह्या द्विपक्षीय वेपार कबलातीक लागून भारताच्या विकसीत देशा वटेनच्या प्रवासाक गती मेळटली अशें मोदी हाणी उपस्थितांक उद्देशून उलयतना सांगलें.

ह्या वेळार प्रधानमंत्री लक्सन हाणी भारताचें वर्णन एक विश्वासू इश्ट अशें केलें, न्यूझीलंडच्या प्रगतीत भारतीय समुदायाच्या योगदानाची तोखणाय केली आनी प्रधानमंत्री मोदी हांच्या फुडारपणाचे कौतुक केले.

Amit Shah –

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज अहमदाबाद शारांत अहमदाबाद नगरपालिकेच्या 405 कोटी मोलाच्या वेगवेगळ्या जन केंद्रीत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्यादी फातर घालतले. ह्या कार्यावळी वेळार मंत्री आपल्या गांधीनगर लोकसभा मतदारसंघा खातीर महत्वाकांक्षी व्यापक वृक्षारोपण मोहीमेची सुरवात करतले.

Shah –

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांणी तरणाट्या पिळगेक ग्रंथालयां कडेन जोडपाचें आवाहन केलां, आनी मनशाचें व्यक्तिमत्व घडोवपांत ग्रंथालयांची म्हत्वाची भूमिका अधोरेखित केली. ते काल नवी दिल्लींत जयप्रकाश नारायण भौशीक ग्रंथालयाचें उक्तावणा वेळार उलयताले. Byte – 21

Agri –

केंद्रीय शेतकी आनी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चव्हाण आयज नवें दिल्लींतल्या पुसा (PUSA) कॅम्पसांत 'पर्यावरण संरक्षण संकल्प' कार्यावळींत वांटो घेतले. या वेळार, ते देशांतल्या सुमार १७ हजार 'वृक्ष मित्रां' कडेन संवाद सादतलें आनी सक्रीय भौशीक सहभागांतल्यान पर्यावरण संवर्धनाचें रुपांतर राष्ट्रव्यापी लोक चळवळींत करपाचें आवाहन करतले. वृक्षारोपण, उदकाचें संवर्धन आणि पर्यावरणीय पुनरुज्जीवन या क्षेत्रांत उल्लेखनीय योगदान दिवपी देशांतल्या सुमार सगळ्याच राज्यांतल्यान आयिल्ले 'वृक्ष मित्र' या कार्यावळींत वांटो घेतले. या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण, शेतकी मंत्री पुसा कॅम्पसांत वांटो घेवपी 'वृक्ष मित्रां' सयत वृक्षारोपण करतले, आनी एका पाचव्या-चार भारता खातीर सामुहीक वचनबद्धतायेची पुष्टी करतले.

Rajnath –

पारंपारीक संरक्षण क्षमता आनी प्रगत तंत्रज्ञान दोनूय घटमूट करून भारत एक घटमूट, स्वावलंबी आनी फुडारा खातीर तयार आशिल्लें संरक्षण दळ उबारता अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान हाणी सांगलां.

ते काल विशाखापट्टणम हांगा आय. एन. एस. महेंद्रगिरी ह्या सव्या 17ए स्वदेशी स्टील्थ फ्रिगेट उदेंत ताफ्यात आस्पवीत करपाच्या सुवाळ्यात उलयताले. Byte – 25

Vaishnaw Rail –

केंद्रीय रेल्वे आनी आयटी (IT) मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी हैदराबाद शाराक एक मुखेल हाय-स्पीड रेल्वे हब म्हूण विकसित करपाची येवजण जाहीर केल्या, आनी या शाराक पुणे, चेन्नई आनी बेंगळुरू कडेन जोडपी बुलेट ट्रेन कॉरिडोराचो प्रस्ताव मांडला. हैदराबाद हांगा एका उद्देगीक कार्यावळींत ते उलयताले. तांणी सांगलें की, या हाय-स्पीड रेल्वे जाळ्याक लागून प्रवासाचो वेळ बरोच उणो जातलो आनी दक्षिण भारतांतल्या मुखेल आर्थिक केंद्रां मदीं connectivity चड घट जातली.

Vaishnaw semiconductor –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या विजन खाल भारताच्या एआय (AI), सेमीकंडक्टर आनी इलेक्ट्रॉनिक्स क्षेत्राच्या विकासांत हैदराबादाची एक म्हत्वाची भूमिका आसतली, अशें केंद्रीय मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. हैदराबाद हांगा हायसी (HYSEA) वरवीं आयोजीत केल्ल्या उद्देगीक फुडाऱ्यांच्या 'टाऊन हॉल' कार्यावळींत ते उलयताले. केंद्रीय मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी भारतीय आयटी (IT) क्षेत्राक सॉफ्टवेअर सेवा मॉडलांतल्यान AI as a Serviceमॉडला कडेन वचपाचें आवाहन केलें.

Goa JPC –

लोकसभा आनी राज्य विधानसभांच्यो वेचणुको एकाच वेळार घेत जाल्यार राज्यवेवस्था बळकट जातली, खर्च उणो जातलो आनी देशाच्या अर्थवेवस्थेक चालना मेळटली अशें "एक देश, एक वेचणूक ह्या विशीच्या संयुक्त संसदीय समितीचे अध्यक्ष आनी खासदार पी. पी. चौधरी हांणी सांगलें. ते गोयांत पत्रकारां कडेन उलयताले. चौधरी हांणी म्हळें, सगळ्या मुखेल राजकीय पक्षांचें प्रतिनिधित्व करपी ही ४१ वांगड्यांची समिती वेगवेगळ्या राज्यांच्यो भोंवडी करून थंयचे सरकार, राजकीय पक्ष, संविधानिक संविधानिक जाणकार, नागरी समाज आनी हेर संबधितांचे विचार जाणून घेता. गोय हें या समितीन भेट दिल्लें णववें राज्य जावन आसा.

FSSAI –

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान (FSSAI) अन्न सुरक्षा आनी मानक कायदो 2006 खाला कथित उल्लंघन केल्याच्या जायत्या गिरायकांच्या कागाळीं उपरांत स्विगी इन्स्टामार्टाक णव नोटीसी जारी केल्यात. FSSAI न एका सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें, अन्न व्यवसाय चालकाक सविस्तर स्पष्टीकरण आनी अनुपालन अहवाल सादर करपाचे निर्देश दिल्ल्यात आनी आनी तशें केले ना जाल्यार योग्य कायदेशीर कारवाई सुरू जातली.

स्विगी इन्स्टामार्ट वरवीं मुदत सोंपिल्लें, इबाडिल्ले, कुशिल्ल्या, दुशीत आनी हेर तरेन असुरक्षित अन्न पदार्थांची पुरवण जाताली असो आरोप गिरायकांनी केला.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) फुडले चार दीस देशाच्या उत्तर आनी उदेंत वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडटलो असो अदमास उक्तायला. ह्या सुवातींनी जम्मू-काश्मीर आनी लडाख, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, पंजाब, चंडीगढ, हरियाणा, दिल्ली, उदेंत उत्तर प्रदेश, छत्तीसगड, ओडिशा, झारखंड अरुणाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा हांचो आस्पाव जाता.

Wimbledon –

विंबल्डन टेनिस सर्तींत काल रातीं लंडनांत 21 वर्सां पिरायेच्या लिंडा नोस्कोवान चेक रिपब्लीकाच्या कॅरोलीना मुचोवाक 6-2, 5-7, 6-3 अशा सेटांनी हारोवन एकोडी गटांत वस्तादपण मेळयलें.

मजगतीं, दादल्यांच्या एकोड्या गटाच्या फायनलीत संवसारांत पयल्या क्रमांकार आशिल्ल्या जॅनिक सिनर आनी जर्मनीचो अलेक्झांडर झ्वेरेवा आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण रातची साडे आठांक सुरू जावपाची आसा.

Cricket –

इंग्लंडान पांचवे आनी निमाणे टी-20 मॅचींत भारताक 56 धांवड्यांनी हारयलो. अशे तरेन इंग्लंडान पांच मॅचींची माळ 4-0 फरकान जिखली. एक मॅच पावसाक लागून रद्द करची पडिल्ली. इंग्लंडान दिल्ले 258 धांवड्यांचे मोखीचो फाटलाव करतना भारतान 20 ओव्हरींनी 8 विकेटी व्हगडावन 201 धांवड्यो केल्यो.